**अल्पसंख्याक मुजत रीण येवजण जागरूकताय कार्यक्रमाचें आयोजन**

ता. 11 मे 2023

गोंय राज्य अल्पसंख्याक वित्त आनी विकास म्हामंडळान गोंयच्या ख्रिश्चन, मुस्लिम, शीख, जैन, पारशी आनी बौद्ध हांचो आस्पाव आशिल्ल्या अल्पसंख्याक समाजातल्या नागरिकांक लागू आशिल्ल्या मुजत रीण येवजणेविशीं जागृताय करपा खातीर आयतार ता. 14 मे 2023 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर आगशी हांगाच्या सेंट लॉरेन्स चर्च हॉलांत कार्यक्रमाचे आयोजन केला.

कार्यक्रमात म्हामंडळाच्या मुजत रीण येवजणेचो लाव घेवन ल्हान वेवसाय सुरू करपाविशीं अल्पसंख्याक समाजातल्या सदस्यांक मार्गदर्शन करपात येतले.

म्हामंडळाचे अध्यक्ष श्री. फ्रान्सिस्को सिल्वेरा हांणी आजोशी-मंडूर, नेवरा, आगशी, शिरदोण-पाळे, भाटी, सांतआंद्रे आनी कुडका-बांबोळी तळावली ग्रामपंचायतींचे सरपंच आनी स्वयंपूर्ण मित्रांनी ह्या जागृताय कार्यक्रमाक उपस्थित रावपाचे तशेंच अल्पसंख्याक समाजातल्या लोकांक जागृताय कार्यक्रमाविशीं कळोवपाचे आवाहन केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/395

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.